**Panaji regional news 25july 2025,7.20pm**

## ‘बेकायदेशीर’ घरांची राखण

1972 पयलीं बांदिल्ल्या 1 लाखां वयर ‘बेकायदेशीर’ घरांची राखण करपा खातीर गोंय सरकारान परिपत्रकां जारी केला. 1972 पयलीं बांदिल्ल्या एक लाखां वयर घरांची राखण करपाच्या हेतान गोंय सरकारान तीन परिपत्रकां जारी केल्यात, अर्जदारान वीज वा उदकाचीं बिलां सारकिले मुळावे कागदपत्र सादर केल्या उपरांत उपजिल्होधिकारी आनी पंचायत तशेंच नगरपालिका कडल्यान उपजिल्होधिकारी आनी पंचायत वा नगरपालिका कडल्यान प्रमाणपत्र मेळपाक पात्र थारतलें अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत घेतील्ल्या पत्रकिर परीशदेवेळार दीला.अर्ज करपाची प्रक्रिया 1 ऑगस्ट 2025 सावन सुरू जातली आनी प्रमाणपत्रां सादर केल्या उपरांत सात दिसां भितर अर्जाचेर प्रक्रीया जातली.उपजिल्होधिकाऱ्यान बांधकाम वसणुकेच्या वाठारांत आसा अशें प्रमाणीत करतलो, जाका लागून खंयच्याय नव्या बांदकामा खातीर ताजें सनाद (जमनीच्या रुपांतर प्रमाणपत्राची) गरज ना अशें  मुखेलमंत्र्यान सांगलें. पंचायत सचीव वा नगरपालिका मुखेल अधिकारी घर कर खातीर थारायतात आनी तें कायदेशीर मानतात हें प्रमाणीत करतले. ह्या प्रमाणपत्रां वरवीं 1972 पयलींच्या सगळ्या घरांक संरक्षण मेळटलें, आनी खंयच्याच नव्या कायद्याची गरज ना अशें मुखेलमंत्री  सावंत हांणी स्पश्ट केलें.

**74 न्यायाधीशांची**

लोकसंख्येच्या निकशांचो उल्लेख करून राज्यांत अतिरिक्त कुटुंब न्यायालयां स्थापन करपाची गरज गोंय सरकारान न्हयकारल्या, पूण घटस्फोट आनी घरगुती अत्याचार प्रकरणांचो वाडत आशिल्ले प्रमाण सुटावे करपा खातीर आनीक 74 न्यायाधीशांची वेगवेगळ्या न्यायालयात प्रलंबीत आशील्ली नेमणूक बेगोबेग चालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज सभाघरांत दिली.आमदार उल्हास तुयेकार हांणी मांडील्ल्या प्रस्नाक जाप दितना मुखेलमंत्र्यान  सांगलें की गोंयांत सध्या 33 न्यायालयां आसात ,आनी वैवाहिक वादाचेर जिल्लो न्यायालयांत वरिश्ठ विभाग नागरी न्यायाधीश निवाडो दीतात, जाल्यार घरगुती हिंसाचार आनी भुरग्यांच्या ताब्यांत घेवपाचे प्रस्न तालुक्याच्या पांवड्यार नागरी न्यायाधीश आनी न्यायालयीन दंडाधिकारी हाताळटा.फाटल्या साडेतीन वर्सांत म्हणल्यारूच जानेवारी 2022 ते जून 2025 मेरेन-2,954 लग्न- आनी घटस्फोटा संबंदीत याचिका दिवाणी न्यायालयांत दाखल जाल्यात.तशेंच राज्यभर, घरगुती हिंसाचार, देखरेखी संबंदीत 2,237 प्रकरणां प्रलंबीत आसात अशे  आमदार उल्हास तुयेकार हांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दीले.  ह्यावेळार  कायदो मंत्री अलेक्सियो सेक्वेरा हांणी मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण 10 लाखां परस चड लोकसंख्या आशिल्ल्या खंयच्याय वाठारांत कुटुंब न्यायालय स्थापन करूं येता अशें स्पश्ट केलें. सुमार 15 लाख लोकसंख्या आशिल्ल्या गोंयांत पयलींच एक कुटुंब न्यायालय आसा अशे मंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

**लग्नापली समुउपदेशन**

गोंयांत घटस्फोट आनी वैवाहिक वाद उणे करपा खातीर लग्नापयलींच्या समुपदेशनाची पद्दत सुरू करपाचो सरकार विचार करता अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. राज्यात घटस्फोटाचे प्रमाण वाडटा. किय फोरेन देशात लग्नापली समुउपदेशन करपाची पद्धत आसा,गोंयातुय अशी पद्धत चालीक लावपाचो सरकार विचार करतलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

**न्हंयों, घसघशांचेर बंदी**

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पावसाळ्याच्या दिसांनी उत्तर गोंयच्या वाठारांतल्यो न्हंयों, तळीं, घसघशें, मीन आनी चिऱ्यां खणीं आनी हेर उदका स्त्रोतांनी पेंवपाक, न्हांवपाक वा देवपाक बंदी लागू करपी आदेश जारी केला. गोंयांत पावसाळ्याच्या दिसांनी थळाव्या मनशांक आनी पर्यटकांक बुडून मरण येवपाच्यो अनेक घडणूको घडिल्ल्याच्या फाटभूंयेर हो आदेश जारी केला.

**कार्यशाळेक**

गोवा राज्य शिक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिषदेंन फातोर्डेच्या डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या जोड पालवान उच्च माध्यमिक शाळेतल्या प्राचार्यांक आनी विज्ञान शाखेतल्या वरिष्ठ शिक्षकांखातीर फाल्या एक कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. 'शाळा मुखेल्यांची फुडारपण तांक वाडोवपाक कृत्रिम बुद्धीमत्तेचो वापर 'ह्या विशयाचेर फातोर्डा हांगा

जावपी ह्या कार्यशाळेक राज्यातल्या सरकारी तशेंच अनुदानीत उच्च माध्यमिक विद्यालयांच्या प्राचार्यानी उपस्थित रावचे अशें गोवा एस सी ई आर टीन मांगलां. कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या तांकी सयत एकत्रित परिवर्तनशील फुडारपणाची तत्वां प्रशासकीय तांक वाडोवपा खातीर प्रभावीपणान कशी वापरूं येता हे दाखोवपाचो ह्या कार्यशाळेचो येत्न आसतलो अशें आयोजकांनी सांगलां. या चर्चासत्रात शालेय प्रशासन व्यवस्थित करपाक , डेटा-चलित निर्णय घेवंक सक्षम करूंक आनी नविनताय हाडून, विद्यार्थी-केंद्रित शिक्षण परिसंस्था वाडोवपाखातीर शालेय फुडाऱ्यांक तयार करपाच्या नदरेन उपेग जातलो.

**शापरा मुखेलमंत्री**

शापोरा न्हंयेतलो गाळ काडपाचे काम ऑक्टोबर मेरेन पुराय जातलें अशें आश्वासनन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शिवोलेची आमदार डीलायला लोबो हीका दीले.शापोरा न्हंयचो गाळ काडपाखातीर सरकारान कीतलेशेच फावट निवीदा काडल्यो खऱ्यो मात कंत्राटदार थारूंक नाशील्ल्यान शापोरा न्हंयतलो गाळ काडपाचे काम अडकुन उरला अशे डीलायला लोबो हीणे म्हणला.न्हंयच्या तोंडा लागसार गाळ साचील्ल्यान नुस्तेमारांक दर्यांत वचपाक आनी येवपाक अडचणी येतात असो प्रस्न आमदार डीलायला लोबोन प्रस्न आनी जापच्या वराक सभाघरात उपस्थीत केल्लो.

**शुन्य  वराक मागणी**

मोपा विमानतळाचे पावसाचे उदक  पेडणेच्या  उगवे, वारखंण्ड ,तशेंच सकयल आशिल्लया हेर  गावांनी येता, हाका लागुन लोकांच्या  घरांनी , शेतांनी तशेचं  हेर  वाठारांनी दक  साचुन रावता  हो प्रस्न सुटावो करपाखातीर सराकरान  उदक वचपाखातीर  वाट करची अशी मागणी पेडेणेचे आमदार  प्रवीण आर्लेकार हांणी विधानसभा अधिवेशनाच्या शुन्य वराक केल्या.जाल्यार  आमदार  जीत आरोलकार हांणी वेलंकानी वचपी ट्रेन सदाच  बुंकीग करपाक गेल्यार  फुल दाखयता. भाविकांक  हांगा वचपाक तिकीटी मेळना, एज्न्टंस पयलीच  ह्यो तिकीटी घेतात, ताका लागुन संबंदित प्रस्न उप्रासला.सरकरान केंद्रिय रेल्वे मंत्रालयाकेड उलोवन हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी जीत आरोलकार हंणी केला.मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार  मुरगांवा कोळसो येरदारीक लागुन वाऱ्याचे प्रदुशण जाता, तशेच ह्या प्रदुशणाक लागुन लोकांच्या भलायकी  ईबाडटा. सराकारान जाता तितल्या बेगीन हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी शुन्य वराक केला. जाल्यार  आमदार  विरेश बोरकार हांणी  म्हादोळच्या जायो हयो बऱ्योच फामाद. मात ज्या सुवातीचेरं  ह्यो जायो लायतात, त्या शेतकारांच्या वेवसायाचेंर  सध्याक हावळ आयल्या, जायो लायतात त्या सुवातीक  उजो घालपाची सत्रा सुरु जाल्यात. उजो  नेमको कोण घालता , ते सोदुन काडुन शे करप्यांचेक कायद्यावरवी खर कारवाय जावपाक जाय. देखुन  सरकरान  जायो रोवपी ह्या शेतकारांचो प्रस्न सरकारान जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी विरेश बोरकार हांणी केल्या.

**खणपाक बंदी**

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पावसाळ्यात उत्तर गोंय वाठारांतलो खंयचोय रस्तो वा रस्त्याचो भाग, पायण वा गल्लीतलो रस्तो व ताचो भाग लेखी परवानगी घेतली बगर खंयचीय व्यक्ती, एजन्सी वा संघटनेक खणपाक बंदी लागू केल्या. पावसाळ्यात खणील्ल्या रस्त्यांचेर उदक सांठून उरता, रस्त्यावली खडी वा चिखलालक लागून निसरून पडतात तशेंच लायटीच्यो वायरी वयर आसल्यार शॉक लागपाच्यो घडणूको घडपाची शक्यताय आसता. अशा तरेन रस्त्यान चलून वचपी मनशाक, वाहनांक आनी सर्वसामान्य लोकांच्या जीवाक गंभीर धोको निर्माण जाता.

**पावस**

तापमान 30.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला